**राजभवनार आसाम आनी नागालॅण्ड राज्याचो स्थापणूक दीस मनयलो**

ता. 6 डिसेंबर 2024

राज्यपाल श्री. पी एस श्रीधरन पिल्लई हांच्या उपस्थित आयज राजभवनार आसाम आनी नागालॅण्ड राज्याचो स्थापणूक दीस मनयलो.

विविधतायेत एकता ह्या संकल्पनेचेर आयोजीत कार्यक्रमात उलयतना राज्यपाल श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी उत्तर-पुर्व राज्यांच्या सहभागा बगर देशाची प्रगती अपुर्ण आशिल्ल्याचें सांगून देशाच्या विकासात आसाम आनी नागालॅण्ड राज्याची भुमिका म्हत्वाची आशिल्ल्याचें म्हणलें.

आसाम आनी नागालॅण्ड ह्या दोनीय राज्यांक इतिहासीक आनी सांस्कृतीक वारसो लाभिल्लो आसून राज्य तशेंच देशाच्या प्रगती खातीर लोकांमदी एकजूट आनी सलोखो आवश्यक आशिल्ल्याचें राज्यपालान सांगलें.

इंग्लिशीतल्यान आसामी भाशेंत अनुवाद केल्ल्या आपल्या पुस्तकाविशीं म्हायती दितना राज्यपालान ह्या पुस्तकाचे प्रकाशन रोखडेच आसामात जातले, अशें सांगलें.

सुरवातीक राज्यपालांचे सचिव श्री एम आर एम राव हांणी येवकाराचे उलवप केले.

आसाम सोसायटी ऑफ गोवाचे अध्यक्ष दिपक मेधी हांणी आसाम राज्याच्या इतिहासीक आनी सांस्कृतीक वारशाची म्हायती दिली.

नागालॅण्ड संघटना गोंयचे अध्यक्ष श्री आलो खिंग हांणी संघटना आपल्या लोकांच्या कल्याणा खातीर कटीबद्द आशिल्ल्याचें सांगलें.

श्रीमती किम हांगसिंग हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले जाल्यार श्री संदेश गडकरी हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/674

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.